**आंतरराष्ट्रीय ज्येश्ठ नागरिक दीस**

ता. 27 सप्टेंबर 2023

समाज कल्याण संचालनालया वतीन 1 ऑक्टोबर 2023 दिसा गोंय ज्येश्ठ नागरिक संघटना आनी रविंद्र भवन, मडगांव हांच्या सहकार्यान "आंतरराष्ट्रीय ज्येश्ठ नागरिक दीस" मनोवपात येतलो. मडगांवच्या रविंद्र भवनात सकाळीं 9.30 ते दनपारां 1.00 मजगती आयोजीत कार्यक्रमाक समाज कल्याण मंत्री श्री. सुभाष फळदेसाय मुखेल सोयरे आसतले. आमदार श्री. दिगंबर कामत, श्री. उल्हास तुयेंकर आनी हेर मानेस्त कार्यक्रमाक उपस्थित आसतले.

ह्या कार्यक्रमात उदरगतीच्या विंगड विंगड क्षेत्रांत मोलादीक सेवा दिल्ल्या गोंयच्या 26 ज्येश्ठ नागरिकांचो सत्कार करपात येतलो. कार्यक्रमाक अनेक शाळांचे विद्यार्थी आनी शिक्षक उपस्थित रावतले. विद्यार्थ्यांक ज्येश्ठ नागरिकांचो सांबाळ आनी मदत करपाचो सोपूत दितले. उपरांत विद्यार्थी ज्येश्ठ नागरिकांच्या हाताक सुरक्षा बंधन बादतले.

कार्यक्रमात ज्येश्ठ नागरिकांक तांच्या खातीर आशिल्ल्या येवजणांची म्हायती करून दितले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/750

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity


Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.